## मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं दिक्षा कार्यक्रमाचो शुभारंभ

ता. 2 डिसेंबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज " दिक्षा" ह्या डिजिटल सेवा कार्यक्रमाचो शुभारंभ केलो. देशातल्या शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपा खातीर राज्यांतल्या अनेक शिक्षकांच्या प्रयत्नांतल्यान हो कार्यक्रम तयार केला. केंद्रीय मानव संसाधन विकास मंत्रालय आनी एनसीटीई च्या ह्या कार्यक्रमाचो शुभारंभ मुख्यमंत्र्यांच्या आल्तिना वयल्या सरकारी निवास्थानार शिक्षण सचीव श्रीमती निला मोहनन, संचालक वंदना राव, उपसंचालक श्री. शैलेश जिंगडे, एससीईआरटी चे संचालक श्री. नागराज होन्नेकरी हांचे उपस्थितीत जालो.

दिक्षा कार्यक्रमा वरवीं शालेय पाठ्यपुस्तकांतल्या प्रत्येक धड्याचो अभ्यासक्रम डिजिटल स्वरूपात उपलब्ध जाला. तशेंच शालेय अभ्याक्रम शिकपाची आवडीचे करपा खातीर ऑडिओ-व्हिज्युअल संवाद आनी स्पश्टीकरणाचो कार्यक्रमात आसपाव आसा.

ह्या कार्यक्रमा खातीर मोबायल एप डावनलोड करपाची गरज आसा आनी त्या खातीर विद्यार्थी, पालक आनी शिक्षकांनी क्युआर कोड स्कॅन करचो पडटलो. 2019-2020 शालेय वर्सा खातीर 5 वी वर्गाच्या ईव्हीएस आनी 6 वी वर्गाच्या गणित विशया खातीर क्युआर कोड आसतलो.

ह्या वेळार ह्या कार्यक्रमाक योगदान दिल्ले खातीर श्रीमती तृप्ती उमेश मांद्रेकर, श्रीमती सुलक्षणा व्ही. गडेकर, श्रीमती आंजेला मोंतेरो, मारिया डिसिल्वा, माफेल मास्कारेन्हस हांका इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2019/825

**DI/NB/JA/PP/AN/2019/1135**

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA